०२-०७-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**Bankers’ Conclave**

शेतकी पिकावळ, नुस्तेपोसवण, फुला, फळा, बाजयो , दुंद  हे विंशी गोंय आता स्वयपुर्ण जावपाक लागला. महत्वाचे म्हणल्यार ह्या सगळ्या मलार बायलांनी फुडाकार घेतिल्लयान आयज  गोंय संबंधित  वस्तु हेर राज्यातल्यान आयात करपाच्य प्रमाणात 25 टक्के घट जाला . जाल्यार  गोंयांत  रोयिल्लयो 10 टक्के भाजयो आता गोंयासांवन निर्यात जाता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंय हे  आंतरराश्ट्रीय पर्यटन राज्य, मात पर्यटना बरोबरुच शेतकी मळार लेगीत  गोंयात खुब संद आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी काल State Level Bankers’ Conclave चे पणजे उक्तावण जाले. त्यावेळार ते उलयताले.ही परीशद दिस चलतली. गोंयचे आप मजत गट वेगवेगळ्यो वस्तु, तशेच शेतकी उत्पन घेतात, तांका सक्षम करपाक बॅकांनी तांका अर्थिक  नदरेतल्यान सराकराच्या वेगेवगल्या येवजणेवरवी मजत करची अशे आवाहनूंय हेवेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केले.  चडान चड प्रशासकीय सेवेंचो लाव डीजीटल माध्यमातल्यान लोकामेरेन पावचो हे नदरेतल्यान सरकार काम करता अशेंय मुखेलमंत्र्यानी म्हणला. तंत्रगिन्यान, नाविन्य, संशोधन, तशेंच डीजीटलायजेशनाच्या माध्यमातल्यान आप मजत गट खुब  फुडे सरपाक शकता अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

सुभाष शिरोडकार

सहकार खात्याचे डिजीटायजेशन करपा सयत खातें घटमुट करपाविशी दिल्लीत मंथन बसकेत चर्चा जाली, अशी म्हायती सहकारमंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली. दिल्लीत जाल्ले मंथन बसके उपरांत तांणी गोंयांत ही म्हायती दिली.

अंदू पुराय देशात सहकार वर्स व्हडा दबाजान मनोवपाचो निर्णय जाला. सहकार चळवळ आनीक घटमुट करपाचेर चर्चा जाली. मंथन बसकेत 25 राज्यांचे सहकार मंत्री हाजीर आशिल्ले. गोंयचो सहकारमंत्री हे नात्यान हांव हाजीर आशिल्लो. सहकार सेवा तशेच खात्याचे डिजीटायजेशन जावपाक जाय. सहकार चळवळीतल्यान उदरगत तशेच सामान्य मनशाक कसो लाव जातलो, हाचेर चर्चा जाली. केंद्रीय सहकारमंत्री अमित शहा आनी हेर तज्ज्ञानी मार्गदर्शन केले. बसकेतल्या निर्णयांची कार्यवाय गोंय सरकार करतलें, अशें तांणी सांगलें.

**फॉर्मेलीनमुक्त नुस्तें**

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान मार्च ते जून ह्या म्हयन्यांत फॉर्मालीन खातीर २ लाख नुस्त्यांच्या नमुन्यांची तपासणी केली. सगले अहवाल नेगेटिव्ह आयिल्ल्या गोंयकारांक फॉर्मालीनमुक्त आनी दर्जेदार नुस्त्याची पुरवण जाता, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याचे मंत्री विश्वजित राणे हांणी ट्विट करून सांगलें.गोंयांत फॉर्मालीनाच्या नुस्त्याची पुरवण जाल्ल्याचो आरोप अदींमदीं जायत आसता. ह्या आरोपांचे फाटभूंयेर तांणी दिली.सात वर्सां आदीं नुस्त्या मदीं फॉर्मालीन सांपडिल्ल्यान राज्यांत बोवाळ निर्माण जाल्लो. २०१९ वर्सा उपरांत क्वालिटी कंट्रोल ऑफ इंडियाच्या (क्यूसीआय) च्या सहकार्यान पोळे वआनी पत्रादेवी हांगचे चेकनाके तशेंच मडगांव नुस्तें मार्केटांत नुस्त्यांची तपासणी जाता. २०१९ उपरांत पोळे हांगा ३३८०५ नमुने, पत्रादेवी ३३९८९ नमुने जाल्यार मडगांवां नुस्तें मार्केटांत १३२७१७ नमुन्यांची तपासणी जाल्या, अशें तांणी सांगलें.

हवामान -

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण 7 जुलैमेरेन राज्यात किरकोळ ते मध्यम स्वरुपाचो पावस पडटलो असो अदमास आसा. फुडलो सप्तकभर यलो अलर्ट जारी केला. राज्यात चडानचड तापमान ३२ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २५ डिग्री सेल्सियस आसतले, अशें य गोंय वेदशाळेन म्हळा.

फुटबॉल- ७०

अनिल कामत मेमोरीयल फुटबॉल सर्तीच्या रोमांचक उपांत्य फेरीयेत आंबेली स्पोर्ट्स क्लब आनी नावेली स्पोर्टींग क्लब पंगडामदी जाल्या खेळात, नावेली स्पोर्टींग क्लब पंगडान निमण्या फेरीयेत पावल घाले. ह्या दोनूंय पंगडामदलो खेळ निर्धारीत खेळात गोलशून्यान बादाबाद आशिल्लो. उपरांत टायब्रेकरवरवी जाल्ल्या खेळात नावेली स्पोर्टींग क्लब पंगडान आंबेली स्पोर्ट्स क्लब पंगडाचेर ५ आड ४ गोलानी जैत जोडले. नावेली पंगडाखातीर रोनाल्डो परेरा, वेनीटो कोस्टा, नोहा लुईस, प्रेसली गोम्स आनी मायरोन गोम्स हांणी गोल केले.